# एससी/एसटी सरकारी कर्मचाऱ्यांखातीर परिसंवाद

ता. 10 ऑक्टोबर 2017
19 कार्तिक 1939

गोंय राज्य एससी/एसटी आयोगान अनुसूचीत जाती आनी अनुसूचीत जमातीतल्या सरकारी कर्मचाऱ्याखातीर ता. 12 नोव्हेंबर 2017 दीसा सांजवेळा 3.00 ते 5.00 वरांमेरेन पणजेच्या मिनेझिसा ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरात परिसंवादाचे आयोजन केला. जमात कल्याण मंत्री श्री. गोविंद गावडे, पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, गोंय राज्य अनुसूचीत जाती वित्त आनी विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दुर्गादास गावडे ह्या कार्यक्रमाक हजर आसतले.

अनुसूचीत जाती आनी अनुसूचीत जमाती अत्याचार प्रतिबंद कायदो आनी सरकारी कार्यालयानी रोस्टर पद्दत अंमलबजावणी विशी जागृती करप हो ह्या परिसंवादाचो उद्देश आसा.